**Panaji national news 16 oct 2026,6.30pm**

## आयएनएस समर्थक

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हानी आयज कर्नाटकातल्या कारवार हागा आय एन एस कदंबा नौदल तळाचेर स्वदेशी बनावटीचे आय एन एस समर्थक हे बहुउद्देशीय जहाज भारतीय नौदलात सामील करून घेतले..ह्या सुवाल्याक नौदल मखेली ॲडमिरल कृष्ण स्वामिनाथन, वरिष्ठ नौदल अधिकारी आणि कर्नाटकचे कामगार मंत्री संतोष लाड हाजीर आशील्ले. तामिळनाडूतल्या कट्टुपल्ली हागा एल ॲंड टी कंपनीच्या पुढाकारान बांधील्ली आय एन एस समर्थक ही, ७५ टक्क्यां परस अधिक स्वदेशी सामग्री वापरून तयार केल्या स्वदेशी बनावटीच्या चार नौकां मधली पयली नौका आसा.सुमारे १०७ मीटर लांबायची ही नौका सागरी निगराणी, गस्त, प्रशिक्षण आणि सहाय्यक कार्यांखातीर तयार केल्या

## संरक्षण मंत्री

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी आयज काँग्रेस पक्षाच्या हेताचेर प्रश्नचिन्ह उप्रासून म्हटला की काँग्रेस पक्ष चुकीची माहिती दिऊन लोकांची दिशाभूल करता. हालींच दिल्ली हागा जाल्ल्या निशेधा संबंदीं काँग्रेस पक्षाच्या हेता विशीं प्रस्न उप्रासले .पक्ष हिंसाचार आनी अराजकतायेचो आदार घेवन वेंचणुकांनी मेळिल्ल्या हाराचो सूड घेवपाची इत्सा दाखयता अशें तानी मुखार म्हटला. ह्या देशांत काँग्रेस राजवटींत कांय अक्षम्य गुन्यांव जाल्यात अशें राजनाथ सिंग हाणी म्हटला. तमो मुखार म्हटला कि

## अर्थमंत्री निर्मला

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांनी आशा उक्तायल्या की भारत-अमेरिका व्यापार करार बेगीतल्या बेगिन पुराय जातली . ही कबलात जागतिक व्यापाराच्या हिताची थारतली आनी दोनुय देशांमधलो आर्थिक संबंध अधिक घटमुठ करतली अश्ये तानी मुखार सांगला. थायलंडाच्या बँकॉक हांगा आय एम एफ-जागतिक बँकेच्या वर्सुकी बसके निम्तान आयोजित बैठकीच्या निमतान अटलांटिक कौन्सिल वांगडा त्यो उलयताल्यो . सीतारामन हाणी मुखार म्हटला की, वाटाघाटी सुरू आसात आनी वाणिज्य तश्येच

उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांनी सांगिल्ले  की, व्यापार कब्लातीचो  पयलो  पावडो निश्चित जाल्लो आसुन ताचो  कायदेशीर मसुदो तयार करप सुरु आसा.

**'कांदा  एक्सप्रेस'**

गिरायक वेव्हार विभाग, किंमत स्थिरीकरण निधीखाला  बफर कांन्याच्या वितरणाचो विस्तार करत आसा. त्रिपुरातल्या आगरतळा हागा  पयलेच फावट  'कांदा  एक्सप्रेस'वरवी कांने धाडपाक  सुरुवात  केल्या . गिरायक  व्यवहार, अन्न आनी  भोवशिक वितरण मंत्रालयान सांगला  की, सुमार ४४० मेट्रिक टन कांद्याची ही खेप ह्या  म्हयन्याच्या १८ तारखे मेरेन  आगरतळा हांगा पावोव्पाची अपेक्षा आसा. मंत्रालयान मुखार सांगला की, सणासुदीच्या हंगामा खातीर कांद्याची उपलब्धता मजबूत करप आनी परवडपी  दर सुनिश्चित करप हो  या निर्णयाचो उद्देश आसा.

**महाषष्ठी**

आयज महाषष्ठी आसुन, ह्या दिसा देशात दुर्गापूजेच्या उत्सवाक  औपचारिक सुरुवात जाता . पश्चिम बंगाल उत्सवाच्या उमेदीन फुलला . सुंदर सजइल्ले मंडप, देवी दुर्गाच्या कलात्मक मूर्ती आणि चैतन्यमय सांस्कृतिक सुवाळे देशांत  भक्तांचे स्वागत करतात . वाईटार बऱ्याच्या  विजयाचो  उत्सव मनोव्पाखातीर  आणि एकवट , सलोखो  एकजुटीचो संदेश दिवपाखातीर  हो उत्सव  मनयतात.

**खेळ  ३०** बायलांच्या क्रिकेटांत आयज रायपूरांत जावपी तीन मॅचींच्या मालिकेच्या पयल्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारताचो  आनी झिंबाब्वेचो सामनो जातलो. हो खेळ सांजे 7:00 वरांचेर रायपूरांतल्या शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जातलो .

**हवामान**

आयज दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडूत  पुडुचेरी आनी कराईकलान व्हड पावस  पद्पाचो अदमास आशील्ल्यान भारतीय  हवामान खात्यान orange alert जारी केला. सोमारा मेरेन आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळम  आनी माहे हांगा जड पावस पद्पाचो अदमास हवामान

एजन्सी कडल्यान काडला .मजगतीं, जोगला , गडगड आनी वारें येवपाची शक्यताय आसा.दिल्ली, अस्तंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, उदेंत राजस्थान,उत्तराखंड, उत्तर कर्नाटक, आंध्र प्रदेश, केरळम , माहे आनी...फुडले दोन दीस लक्षद्वीप हागा  अशीच परिस्थिती जावपाची शक्यताय आसा. आयज कोंकण आनी गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.